2016 III 19 1000 Seat No. | | | | | |

Time : 2½ Hours

**KONKANI Language II**

Subject Code

| H | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|

Total No. of Questions : 8 (Printed Pages : 8) Maximum Marks : 80

**सुचोवण्यो :** (*i*) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उप-प्रश्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगले प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** विधानांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 10

(क) नाटकांतलयान येवन हे अशें न्हिदलयात दिसता म्हाका तर कांयच कळ्ळे नां''

(ख) देव जसो सृश्टीचो निर्मातो, तसो शिक्षक आदर्श समाजाचो निर्मातो.

(ग) सपनां पळयात. जे सपनां पळेतात तेच ती साकार करूंक शकतात.

(घ) दोतोर जावनूय हांव फहवलो! एम्. डी. आसुनूय.

2. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8 ते 10 उत्तरांनी बरयात : 2

(अ) दिपकावणेच्या वेळार लेखकाचे दोळे कितें पळोवपाक आतूर जाल्ले आसताले ?

(आ) कोडीबाग बंदराचें महत्व उणें कशें जालें ?

(इ) खंयच्या हावेसान दुर्योधन कुड्डो जाला म्हण धृतराष्ट्र गांधारीक सांगता ?

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उत्तरांनी बरयात : 6

(अ) गोयंकार जगाभायले न्हय ........................ ताकाय उसळूं येता अशें लोहियांनी केन्ना आनी कित्याक म्हणलें ?

(आ) जाण्टेपणांत मनशाक दुसऱ्याच्या आदाराविना जियेवप शक्य जायना, अशें लेखकाक दिसपाचें कारण किते ?

(इ) पिसोळें सोडून वतना लेखिकेचें मन खिन्न कित्याक जालें ?

(ई) पर्यावरणाचे प्रस्न निर्माण जावपाचें कारण किते ?

3. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** पद्यांशांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 8

(अ) पादरी चीट वाचीना, वडील माटव रचीना

म्हज्या तुज्या बऱ्या फाल्यां सोयऱ्या सावळी येचीना.

(आ) शिरच्या पानां रंगला इडो

जीव माजोलो सैर भैर............

पाळण्यां सारको रडटा चेडो.

(इ) कुंडी फोडिल्लीं झाडां

खुबूच व्हड जायत गेलीं

ह्या झाडाच्या वाडीर हांवेय

अभिमानान छाती फुलयली.

(ई) आंकुरवंती उफाड धरती

म्हवरें साळोक आतुर भोंवरा

अंती उगत्यो कळो भितल्ल्यो

सूर ज्योतिर्मय हुमरा हुमरा:

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रश्नांच्यो जापो दरेकी 30 ते 35 उत्तरांनी बरयात : 6

(अ) 'गोंमटें गोंय' संगिताच्या निजान निर्मितल्याक होरायता ही कवीची कल्पना स्पश्ट करात.

(आ) धाय दिकांनी मस्ती ओतत येवपी अश्या होळयेरातीचें वर्णन कवीन कशें केलां ?

(इ) 'एक हावेस' हया कवितेंत कवीची सामाजीक नदर कशी दिसून येता ?

(ई) दोळ्यांपली दोन दुकांय एक दीस इतिहास जमा जातली अशें कवियत्रेक कित्याक दिसता ?

4. (क) सकयल दिल्लीं खंयचींय **चार** वाक्यां कंवसांत सुचयिल्ले प्रमाण बदलून बरयात : 4

(अ) व्हडली मामी ताका बरी करताली.

(अर्थ बदलिनासतना न्हयकारी करात)

(आ) हया वाठारांत आयतारा दिसा (कारवार) सांते बाजार भरता.

(कंवसात दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

(इ) ताका पळोवन आईक अजाप जालें.

(वर्तमान काळांत करात)

(ई) मनीस सैमांक परतें कांयच दिना.

(प्रस्नार्थी करात)

(उ) तुका मेळ्ळा तेंच सुखान भोगशी ?

(आज्ञार्थी करात)

(ख) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात : 2

(अ) आपलो इश्ट गांव सोडून वता तें पळोवन प्रकाशक रडूंक आयलें.

(आ) पोरणीं आयदनां फुटल्यांत म्हण आवयन तीं आयदनां कुशीक काडून दवरलीं.

(ओग भायर काडप, दोळे भरून येवप, कावलाक काडप, जिवाक गोळ लागप.)

(ग) सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचें फावो तें रूप रित्या सुवातीनीं घालून उतारो पुराय करून बरयात : 2

कारवार बाजारा वाठारांत एकमेकांक तेंकून कांय इमारती ............ पूण हेर वाठारांत ल्हान व्हड पोरसांतलीं मेकळीं घरां ............ .

(आसप, रावप, पावप, दिसप)

5. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उत्तरांची उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात : 3

(अ) आशा

(आ) हून

(इ) मुखार

(ई) आलतड

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उत्तरांची विशेशणां करात : 3

(अ) लांबाय

(आ) वेव्हार

(इ) जैत

(ई) गिन्यान

(ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उत्तरांची भावनामां : 3

(अ) गंभीर

(आ) बंडखोर

(इ) मानाय

(ई) उमेद

(घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** ओपारींचे अर्थ बरयात : 3

(अ) काडली जीब लायली ताळयाक.

(आ) फुटके पायलेन मेजप.

(इ) दिसले मडे आयले रडे.

(ई) आवळो दिवन कुवाळो काडप.

(उ) ह्यातार साखर मानेर कातर.

6. (क) 'हेल्मेट सक्ती गरजेची' ह्या विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट/इश्टीणी वांगडा केल्लो संवाद 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

(ख) विवेकानंद उच्च माध्यमिक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'शिक्षक दीस' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका/आपोवणे तयार करात. 5

7. (क) सकयल दिल्लो उत्तारो वाचून सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उत्तरांनी बरयात :

कलाकार हो शिकोवन तयार करूंक येना; सो जलमानच कलाकार आसचो पडटा, अशें म्हणटात. हें म्हणणे सारकें न्हय. ज्या मनशाक कलाकार जावपाची प्रामाणिक इत्सा आसता, ताणे यत्न केले जाल्यार तोवूय एक बरो कलाकार जावं येता. आनी आंगांत प्रतिभा आसूनय अभ्यास वा यत्न नाशिल्ल्यान एकाद्रो कलाकार फुकट वचूं येता.

कलाकाराची तुलना लेखक सदांच झाडाच्या बिंयांकडेन करतां. बीं बरें आसले म्हणून झाड वयर सरना, फुलना, फळना. तें वयर काडचेखातीर वाटेवयल्या आडांगी भुरग्यांच्या आनी गोरवां जनावरांच्या तोंडांतल्यान ताका राखण दिवची लागता. तशेंच कलेचें. देखून बरो कलाकार जातलो जाल्यार निखटी प्रतिभा आसून भागना. ताणें कलेची साधना करचेली गरज आसता. प्रतिभा म्हळयार बीं. जमीन म्हळयार कलाकाराचें मन. तें जितलें संवेदनक्षम, जितलें अणभव-समृद्ध, तितली बिंयाक मेळिल्ली भूंय सुपीक अशें म्हणूं येत. झाड वयर काडूंक मनीस कशी जतनाय घेता तशीच जतनाय कलाकारान आपल्या कलेची साधना करून घेवंक जाय.

प्रश्न :

(अ) मनीस एक बरो कलाकार केन्ना जांव येता ? 1

(आ) एकाद्रो कलाकार फुकट कसो वचूं येता ? 1

(इ) लेखक कलाकाराची तुलना कोणाकडेन करता ? 1

(ई) बरो कलाकार जावपाखातीर किर्ते करूंक जाय ? 1

(उ) उता-याक फावोसो माथाळो दियात. 1

(ख) तुमी/रीना नायक/राजीव नायक, घर नं. 202, धुळेर, म्हापसा, गोंय अशें समजून सकयल जायरातींत दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज बरयात. 5

**गरज आसा**

**ग्रंथपाल (लायब्रेरीयन)**

| | | |
|---|---|---|
| शिक्षणीक पात्रताय | : | बारावी पास |
| | — | ग्रंथ पालाचो कोर्स. |
| | — | संगणकाचें गिन्यान आसप गरजेचे. |
| | — | कोंकणी भाशेंचे गिन्यान. |
| अणभव | — | उण्यांत उणें एक वर्स. |

पुराय म्हायती सयत अर्ज करात

संपर्क : वेवस्थापक

ज्ञान विकास वाचपा घर,

मदलो वाडो, दिवचल—गोंय.

8. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** विशयाचेर सुमार **250** उतरांनी निबंद बरयात : 8

(अ) हांव मांडवी न्हंय उलयता.

(आ) स्वच्छ भारत अभियान.

(इ) गोंयातलो वाडटो भ्रष्टाचार

(ई) म्हजो आवडटो फुडारी.